# <u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक नातलांची परबीं</u>

ता. 24 डिसेंबर 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून ख्रिश्चन भावांक मनाकाळजातल्यान नातलांची परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, नातलांची परब येशू क्रिस्ताच्या जल्म दिसा मनयताता. नातलां हो भावपण आनी उमेदीचो सण. हो सण आमकां त्याग, मोग, सलोखो, दया आनी शांतीकायेचो संदेश दिता. हो पवित्र सण मनयतना आमी एकामेकाक आदार करून जेजू ख्रिस्ताच्या मोग आनी भगसणेच्या संदेशाचे आचरण करपाक जाय.

भारत देशांत सगळें उत्सव व्हडा उत्साहान, उमेदीन आनी भावपणान मनोवपाची परंपरा आसा. ही परंपरा मजबूत करपाक नातलां हो एक म्हत्वाचो सण आसा. तशेंच नातलां हो शांतीकाय आनी भक्तिभाव वाडोवपाचो सण. मनशाक भक्तिच्या भावनेतल्या इश्वराचो आशिर्वाद प्राप्त जाता.

नातलांचो सण सगळ्यांच्या जीणेत खुशालकाय घेवन येव. ह्या प्रसंगार आमी सगळ्यांनी शांतीकाय आनी एकजूट राखून राज्याच्या उदरगतीचो संकल्प करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/811

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji